**Panaji National 25th January 2026 8.40am**

- **प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आज सकाळीं 11 वरांचेर आकाशवाणी वेल्या 'मन की बात' कार्यावळीं वरवीं देश विदेशांतल्या लोकां कडेन संवाद सादतले.**
- **राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू आज 77व्या प्रजासत्ताक दीसाच्या पूर्वसांजेर राष्ट्राक उद्देशून उलोवप करतल्यो.**
- **युरोपीय आयोगाच्यो अध्यक्षा उर्सुला फॉन डेर लायन काल भारताच्या अधिकृत भोंवडेर नवी दिल्लीत पावल्योत. सोमारा प्रजासत्ताक दीस सुवाळ्यांत त्यो मुखेल सोयरयो आसतल्यो.**
- **वेंचणूक आयोग (ईसीआय) आज नवी दिल्लींत सोळावो राष्ट्रीय मतदार दीस मनयतलो.**
- **बायलांच्या प्रिमियर लीग क्रिकेट सर्तींत काल रातीं बडोदात जाल्ल्या खेळांत दिल्ली कॅपिटल्सान रॉयल चॅलेंजर्स बेंगळुरूक 7 विकेटींनी हारयलो.**

---------------------------------------

Maan Ki Baat

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आज सकाळीं 11 वरांचेर आकाशवाणी वेल्या 'मन की बात' कार्यावळीं वरवीं देश विदेशांतल्या लोकां कडेन संवाद सादतले. हो ह्या म्हयन्याळ्या रेडिओ कार्यावळीचो 130वो भाग आसतलो. आकाशवाणी आनी दूरदर्शनाच्या पुराय नेटवर्काचेर, AIR News वेबसायटीचेर आनी Newsonair मोबायल ॲपाचेर हो कार्यक्रम प्रसारीत जातलो. तशेंच AIR News, डीडी न्यूज, पीएमओ आनी म्हायती आनी प्रसारण मंत्रालयाच्या युट्युब चॅनलांचेर ताचे थेट प्रसारण जातले. हिंदी प्रसारणा उपरांत रोखडेंच आकाशवाणी प्रादेशिक भाशांनी ही कार्यावळ प्रसारीत करतली.

---------------------------------------

PM rojgar

सरकार भारतांत आनी परदेशांत तरणाट्यां खातीर नव्यो संदि निर्माण करपा खातीर यत्न करता अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सांगलां. भारत जायत्या देशां कडेन वेपार आनी मोबिलिटी करार करता, जाका लागून देशांतल्या कुशळ तरणाट्यां

खातीर जायत्यो संदी उक्त्यो जातात अशें तांणी मुखार सांगलें. प्रधानमंत्र्यांनी काल नवी दिल्लीच्यान व्हर्च्युअली अठराव्या राष्ट्रीय रोजगार मेळ्याक संबोधित केले.

---------------------------------------

Prez

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू आज 77व्या प्रजासत्ताक दीसाच्या पूर्वसांजेर राष्ट्राक उद्देशून उलोवप करतल्यो. राष्ट्रपतींचे हे भाषण सांजवेळा 7 वरांचेर आकाशवाणीच्या पुराय राष्ट्रीय नेटवर्काचेर प्रसारीत जातलें. तशेंच दूरदर्शनाच्या सगळ्या चॅनलांचेर हिंदींत आनी उपरांत इंग्लीशींतल्यान प्रसारीत जातले. त्या उपरांत राष्ट्रपतीचें भाषण दूरदर्शनाच्या प्रादेशिक चॅनलांचेर प्रादेशिक भाशांनी प्रसारीत जातले. आकाशवाणी आपल्या प्रादेशिक नेटवर्कांचेर रातच्या 9.30 वरांचेर राष्ट्रपतींचे भाषण प्रादेशिक भाषेत प्रसारित करतली.

---------------------------------------

EU

युरोपीय आयोगाची अध्यक्षा उर्सुला फॉन डेर लायन काल भारताच्या अधिकृत भोंवडेर नवी दिल्लीत पावल्योत. परराश्ट्र मंत्रालयाचे प्रवक्ते रणधीर जायसवाल हांणी सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत म्हळां भारत-युरोपीय संघाच्या धोरणात्मक भागीदारीच्या फुडल्या टप्प्याक मुखार व्हरपाचेर हे भेटीचेर भर दितले. सोमारा प्रजासत्ताक दीस सुवाळ्यांत युरोपीय काउन्सिलाचे अध्यक्ष आंतोनियो लुईस सांतोस दा कोस्टा बरोबर त्यो मुखेल सोयरयो आसतल्यो.

---------------------------------------

ECI

वेंचणूक आयोग (ईसीआय) आज नवी दिल्लींत सोळावो राष्ट्रीय मतदार दीस मनयतलो. राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू ह्या कार्यावळीच्यो मुखेल सोयऱ्यो आसतल्यो. “म्हजो भारत, म्हजे मत” हि अंदूंच्या राष्ट्रीय मतदार दिसाची संकल्पना आसा आनी ‘भारतीय लोकशाहीच्या केंद्रस्थानी नागरिक’ हे ताचे tagline आसा. ह्या सुवाळ्या वेळार राष्ट्रपती नव्यान नोंदणी केल्ल्या तरणाट्या मतदारांक मतदार फोटो वळखपत्रां दितल्यो. तशेंच तंत्रगिन्यानाचो प्रभावी वापर, वेंचणूक वेवस्थापन, मतदार जागृताय उपक्रम, सयत वेगवेगळ्या वर्गांत उत्कृश्ट वेंचणूक पद्दती पुरस्कार आनी प्रसार माध्यमां खातीर खाशेले पुरस्कार भेटयतल्यो.

---------------------------------------

Akashvani

आकाशवाणीच्या खबरा सेवा विभागाक 2025 वर्सा खातीर मतदार शिक्षण जागृताय मोहिमेत उत्कृश्ट मोहिमे खातीर इलॅक्ट्रॉनीक रेडिओ विभागांत मिडिया पुरस्कार फावो जाला. राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू आयज नवी दिल्लींत राष्ट्रीय मतदार दीसाच्या कार्यावळींत हो पुरस्कार भेटयतल्यो. हो पुरस्कार सुलभ वेंचणूके विशीं जागृताय वाडोवप आनी वेंचणुकेंत वांटो घेवपाक प्रोत्साहन दिवपाखातीर आकाशवाणीन दिलेल्या योगदानाची दखल घेता.

---------------------------------------

Goyal

शुद्ध वेंचणूक वळेरी ही लोकशायेचो आधार आसा अशें काल मुखेल वेंचणूक आयुक्त ज्ञानेश कुमार हांणी सांगलें. ह्या उद्देशान वेंचणूक नोंदींचो खाशेलो सघन पुनरावलोकन (एसआयआर) सुरू केला. दरेका पात्र मतदाराचें नांव वेंचणूक वळेरेंत जोडून दरेका अपात्र मतदाराचें नांव काडून उडोवप हो ताचो हेत. राष्ट्रीय मतदार दीसाच्या पूर्व सांजेर जारी केल्ल्या संदेशांत तांणी हे भाष्य केले.बिहारांत एसआयआर येसस्वीपणान पुराय जाला आनी सध्या 11 राज्यांनी आनी केंद्र शासित प्रदेशांनी सुरू आसा अशें कुमार हांणी सांगलें. हेर राज्यांनीय बेगीनूच एसआयआर सुरू करतले अशें तांणी सांगलें. आयोगान नागरिकांक सगळ्यो मतदार सेवा एकाच प्लॅटफॉर्म ECI-Net वरवीं उपलब्ध करून दिल्या अशें तांणी सांगलें.

---------------------------------------

Panchayati Raj

पंचायती राज मंत्रालय आयज नवी दिल्लींत वेंचून आयिल्ल्या पंचायती प्रतिनिधींचो भोवमान करतले. प्रजासत्ताक दिसाची परेड पळोवपाक ह्या प्रतिनिधींक खाशेले सोयरे म्हूण आपयल्यात. केंद्र सरकाराच्या मुखेल येवजण्यांनी पुराय येस मेळिल्ल्या पंचायतींतल्या सुमार 240 सरपंच, मुखिया, ग्राम प्रधान आनी ब्लॉक आनी जिल्लो पंचायत अध्यक्ष हांचो आस्पाव भोवमानाथ्यां मदीं आसा.

मंत्रालयान युनिसेफाच्या जोड पालवांन विकसित केल्लो पंचायत मजत आनी संदेश सेवा - पंचम चॅटबॉटाचो ह्या कार्यावळींत शुभारंभ जातलो. पंचम हें एक डिजिटल प्लॅटफॉर्म आसा जें पंचायत प्रतिनिधी, अधिकारी, आनी नागरिकां मदीं थेट, वेळार आनी द्वि-मार्गी संवाद सादपाक सुविधा दिता. ह्या मंचा वरवीं येवजण्यो, प्रशिक्षण साहित्य, सर्वेक्षण, आनी पंचायत सेवां कडेन संबंदीत म्हायती सहज उपलब्ध

जातली, जाका लागून तळागाळांत पारदर्शक आनी प्रभावी सेवा वितरणाक चालना मेळटली.

---------------------------------------

NCC

संवसारिक अनिश्चिततायेच्या काळात, देशांतल्या तरणाट्यांनी सदांच तयार रावपाक जाय अशें संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंगा हाणी म्हळां. ते काल नवी दिल्लींत राष्ट्रीय कॅडेट कॉर्प्स (एनसीसी) प्रजासत्ताक दिस शिबिरांत कॅडेटांक उद्देशून उलयताले.

---------------------------------------

IMD

भारतीय हवामान खात्यान (आयएमडी) आयज पंजाब, हरियाणा, चंडीगढ आनी दिल्लीत सामके दाट धूक्याचो orange alert जारी केला. आयएमडीन आयज उप हिमालयन अस्तंत बंगाल, सिक्किम आनी मध्य प्रदेशाचेर दाट धुकें पडटलें असो अदमास उक्तायला. पंजाब, राजस्थान आनी हिमाचल प्रदेशात आयज कुडकुडयाचे शि पडपाची शक्यताय आसा अशें हवामान खात्यान सांगलां. तशेंच ह्या म्हयन्याचे 26 मेरेन तमिळनाडू पुडुचेरी आनी कराईकलात गडगड आनी जोगला मारपाचो अदमास हवामान खात्यानं उक्तायला. आयएमडीन सांगलां की, ह्या म्हयन्याच्या 27 मेरेन जम्मू-काश्मीर आनी लद्दाख, हिमांचल प्रदेश आनी उत्तराखंडात हलको ते मध्यम पावस आनी बर्फ पडपाची शक्यताय आसा.

---------------------------------------

Cricket

दादल्यांच्या 19 वर्सां सकयल्या क्रिकेट विश्वचषकांत भारतान झिंबाब्वेत जाल्ले तिसरे आनी निमाणे गट पांवड्यावेल्या मॅचींत न्यूझीलंडाक सात विकेटींनी हारयलो. पावसाक लागून खंडीत जाल्ले मॅचींत भारता मुखार डकवर्थ-लुईस पद्दती प्रमाण 37 ओव्हरींनी 130 धांवड्यांचें सुदारीत लक्ष्य आशिल्लें. भारतान फक्त 13.2 ओव्हरींनी हें लक्ष्य गाठले.

---------------------------------------

WPL

बायलांच्या प्रिमियर लीग क्रिकेट सर्तींत काल रातीं बडोदात जाल्ल्या खेळांत दिल्ली कॅपिटल्सान रॉयल चॅलेंजर्स बेंगळुरूक 7 विकेटींनी हारयलो. बेंगळुरूच्या 110 धांवड्यांच्या लक्ष्याक जाप दितना दिल्ली कॅपिटल्सान 15 ओव्हरींनी आनी चार बॉलांनी 111 धांवड्यो करून मॅच जिखली. दिल्ली कॅपिटल्साच्या पंगडा खातीर लॉरा वॉलवॉर्डटन 38 बॉलांनी नाबाद 42 धांवड्यो केल्यो.

----------------------------------------